# धारबांदोड्या तालुका पांवड्याचेर  प्रजासत्ताक दीस सुवाळो जालो

ता. 26 जानेवारी  2022

धारबांदोड्या तालुका पांवड्याचेर आयोजीत 73 व्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात उपजिल्हाधिकारी श्री. रमेश नाईक हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली.

सुवाळ्यात उलयताना श्री. रमेश नाईक हांणी प्रजासत्ताक दीस हो उमेदीचो दीस आसून  1950 वर्सा ह्याच दिसा आमच्या देशाचे संविधान अमलात आयले, अशें सांगलें. भारत देश हो व्हड लोकशाय देश आसून आमच्या संविधानान आमकां न्याय, स्वातंत्र्य, समानता अशें हक्क दिल्ले आसून आमी ह्या हक्कांक पाळो दिवपा वांगडाच कर्तव्य भावनेन देशाची सेवा करपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी म्हणलें.

सुवाळ्याक मामलेदार प्रविणजय पंडित, भलायकी अधिकारी डॉ. संदेश मडकईकर, पुलीस निरिक्षक संजय दळवी, स्वातंत्र्य सैनिक आनी सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

श्रीमती प्रिया नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/78

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji